Akashvani Panaji 5th September 2025 Regional news 7.25 am

Cm gst

6 व्या gst council च्या बसकेत gst केल्या सुदारणाक लागुन next gen gst reforms केंद्र सरकारान केला. केंद्र सरकाराचो वो इतीहासीक निर्णय जावन आसा अशे म्हणीत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी वित्त मंत्री निर्मला सितारिमन हांणी देशवासीयांक दीवाळेपयली व्डड gift दीला . 22 september सांवन सुधारीत gst देशभर लागु जातली अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.जाल्यार गोंयच्या पर्यटन,शेतकी मळ उद्देग तशेंच खण वेवसायाक ह्या सुधारीत gst चो फायदो जातलो. tax payers चो आकडो वाडटलो,उत्पादन निर्मिती, कापड निर्मिती export हाका लेगीत चलना मळटली अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.gst लागु केल्या उपरांत राज्याच्या शुल्काच्या येनावळीत 74 % वाढ जाला,जाल्यार कर शुल्क भरतल्याचे प्रमाण गोयांत 112 टक्यांनी वाडला अशे मुखलमंत्र्यान सांगले. दील्ली 56 gst council बसके उपरांत आयज पणजे घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत मुखेलमंत्र्यान ही म्हायती दील्या.

---

Bits pilani

बिरेस्तारा bits पिलानी गोंय संकुलात आनिकूय एक विद्यार्थ्यान आपलो जीव सोपयलो . हे विंशी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी काल हुस्को उक्तायला, जाल्यार दक्षीण गोंय जिल्होधिकाऱ्याच्या अध्यक्षतायेखाला समिती स्थापन करुन ह्या प्रकरणाची खोलायेन चवकसी करपाचो आदेश आपणे दिला अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. ह्या समितीच्या अहवालाचो नियाळ घेतले आनी उपरांत फुडले प्रतिबंधात्मक उपाय चालीक लावपा खातीर निर्देश जारी करतले. उत्तर गोंयांतय अशीच समिती स्थापन करतले अशें मुखेलमंत्रीयनी सांगलें. समुपदेशन आनी प्रतिबंधात्मक उपाय करपा संबंदी संस्थांक सल्लागार आनी सुचोवण्यो दितले अशें मुखेलमंत्र्यानी सांगलें.

---

Gst

जीएसटी दराचे नवे स्लॅब व सुधारणा वेवसाय गिरायकां खातीरूच फायद्याचे ना जाल्यार ते समाजा खातीरूय फायद्याचे आसा अशें गोवा चेंबरची अध्यक्ष प्रतिमा

धोंड हांणी म्हणला. विमा आनी भलायकी सेवांचेर जीएसटी परवडपी आशिल्ल्यान मागणेंत वाड जातली. हाका लागून देशाची समाजीक आनी अर्थीक घडी घटमूट जावपाक मजत जातली, अशें गोवा चेंबरचे अध्यक्ष प्रतिमा धोंड हांणी म्हणला.दर कपातीक लागून जीडीपी वाडींत भर पडटली. हाका लागून राष्ट्रीय विकास दर ०.५ टक्के वाडपाची शक्यताय आसा. उणो केल्ल्या दराक लागून खर्च करपा योग्य उत्पन्न वाडटलें आनी ऑटोमोबायल्स, गिरायक उपेगी वस्तू, कपडे आनी हेर म्हत्वाच्या उत्पादनांची मागणी वाडटली. उणो अनुपालन खर्च आनी उण्या केल्ल्या कराचो लाव सुक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देगांक जातलो, अशें गोवा चेंबरान म्हणला.

---

Cancer center

बांबोळे गोंय वैजकीय म्हाविद्यालय आनी हाॅस्पीटलाच्या वाठारात येवपी tertiary cancer center च्या तिसऱ्या स्लॅबाची कामाची पळोवणी भलायकी मंत्री विश्वजीत राणे हांणी प्रत्यक्ष भेट दींवन केली. tertiary cancer center वरवी दुयेतींकबरी उपचार सेवा दीवपाक कटीबद्ध आसा अशे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला. दुयेंती खातीर ह्या सुविधेवरवी खाशेल्या सेवांचेर लक्ष केंद्रीत करतले.केन्सरासारख्या दुयेसाचेर उपचार परवडपी दरात करपा खातीर पी.पी.आय.एल.टी वांगडा कबलात करून दुयेतींक बरे करपाची सुविधा हाडपी मेगा वैजकी शिबिरां, आनी ए.आय यंत्रणेवरवीं चालना दिवपीा कॅन्सराची तपासणी हयो सुविधा सरकार उपलब्ध करून दीतले अशे मंत्री विश्वजीत राणे हांणी म्हणला.

---

sports

हॉकींत राजगीर आंतरराश्ट्रीय मैदानाचेर आशिया करंड वस्तादपण सर्तींत सुपर फोर स्टेज मॅचींत भारतान मलेशियाचेर 4-1 अशें वर्चस्वपूर्ण जैत मेळयलें. ह्या जैताक लागून भारत आतां चार गूण घेवन सुपर फोर गटांत पयल्या क्रमांकाचेर आसा, तातूंत कोरिया, मलेशिया आनी चीन हांचोय आस्पाव आसा. फाल्यां सुपर 4 पूल स्टेजांत भारत , चीना आड खेळटलो.

---

weather

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडांत चड तापमान ३१ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर उण्यात उणें तापमान २५ डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.उत्तर & दक्षिण गोंयातल्या कांय सुवातींनी हलको ते मध्यम पावस पडपाची शक्यताय आसा अशे वेधशाळेन कळीत केला